# पशुधन शेतकारांक अदीक आर्थिक शाश्वती दिता- प्रा. एस. पी. सिंह बघेल

ता. 13 ऑगस्ट 2024

पशुधन शेतकांर आनी दुद वेवसायिकांक अदीक आर्थिक शाश्वती दिता. शेतकारांक पिक उत्पादनां बाबतीत आशिल्लो धोको पशुधन कमी करता, अशें केंद्रीय नुस्त्याउत्पादन, पशुविकास आनी दुदविकास राज्यमंत्री प्रो. एस. पी. सिंह बघेल हांणी सांगलें.

प्रो. एस. पी. सिंह बघेल आयज पणजे गोंय आनी केरळ राज्यांतल्या नोडल अधिकाऱ्यांखातीर केंद्र सरकारच्या नुस्त्याउत्पादन, पशुविकास आनी दुदविकास मंत्रालयान पशुधन गणना, सॉफ्टवेअर प्रादेशीक विशिश्ट निपज ह्या विशयाचेर आयोजीत एका दिसाच्या प्रादेशीक प्रशिक्षण कार्यक्रमात उलयताले.

पशुधन गणना म्हत्वाची आसून ती देशांत दर पाच वर्सांनी जाता. दुद उत्पादन वाडोवपा खातीर धोरण आनी येवजण्यो राबोवपा खातीर ह्या गणनोचो उपेग जाता, अशें तांणी सांगलें. पशुधन गणना करपा खातीर ह्या प्रशिक्षण कार्यशाळेचो बरो उपेग जातलो, अशेंय तांणी सांगलें.

मंत्रालयाचे स्टॅटिस्टिक सल्लागार श्री. जगत हझारिका हांणी पशुधन गणना कार्यशाळेविशीं म्हायती दिली.

गोंय सरकारचे पर्यावरण सचीव श्री. अरूण कुमार मिश्रा आनी आयसीएआर चे संचालक डॉ. बी. पी. मिश्रा हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

गोंय सरकारच्या गोरवां सांबाळ आनी पशुचिकित्सा सेवा खात्याचे संचालक डॉ. नितीन नाईक हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो. श्री. व्ही. पी. सिंग हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/401

--
---------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.